राष्ट्रीय खबरो 31.०७.२०२५ @ 8.40 am

नवी दिल्लीत भारत आणि संयुक्त अरब अमिरातीन द्विपक्षीय संरक्षण सहकार्य मजबूत करपाक बसका जाली

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी म्हणला की नरेंद्र मोदी सरकारच्या काळात जम्मू आणि काश्मीर दहशतवादापासून मुक्त जातले.

गोयात फाल्स मालमत्ता ऑनलायन पोस्ट करून पर्यटकांक कोट्यांनी रुपयां खातीर फटोवपाच्या संदर्भात CBIचो अर्थिक गुन्यांव फांटो (ईओबी), मुंबयन हो खटलो नोंद केलां अशी जाप गृहमंत्री अमित शाह हाणी दिल्या

टेबल टेनिसांत भारताचे मुखेल खेळगडे आयज सुरू जावपी डब्ल्यूटीटी स्टार कंटेंडर ब्राझील 2025 सर्तींत वांटो घेतले

JDCC 120

नवी दिल्लीत जाल्या १३ व्या भारत-यूएई संयुक्त संरक्षण सहकार्य समिती (जेडीसीसी) बसकेत भारत आणि संयुक्त अरब अमिरातीन द्विपक्षीय संरक्षण सहकार्य मजबूत करपाच्या त्यांच्या वचनबद्धतेची पुष्टी केली. संरक्षण सचिव राजेश कुमार सिंग आणि यूएईचे संरक्षण उपसचिव लेफ्टनंट जनरल □ब्राहिम नासेर अलावी यांच्या संयुक्त अध्यक्षतेखाला ही बसका जाली. बसके मजगती, व्यापार, गुंतवणूक आणि सामाजिक संबंधांसारख्या क्षेत्रातल्या वाढत्या गतीकडे जुळोवन घेवपाक संरक्षण संबंध वा डोवपाचेर दोनय वटांनी सहमती दर्शयली. लष्करी प्रशिक्षण सहकार्य वाडोवपा चेरूय सहमती जाली आणि त्यांच्या संबंधित प्रशिक्षण आवश्यकतांचेर चर्चा केली. भारतान यूएईच्या गरजांप्रमाण तयार केले सानुकूलित प्रशिक्षण अभ्यासक्रम प्रदान करपाची ऑफर दिली. रिअल-टा□म माहिती सामायिकरणा .वरवी सागरी सुरक्षेचेर सहकार्य करपाकय मान्यता जाली. जहाजबांधणी, दुरुस्ती, अपग्रेड आणि सामान्य प्ला□फॉर्मच्या देखभालीतल्या संधींसयत कृत्रिम बुद्धिमत्ता सारख्या उदयोन्मुख क्षेत्रांमदी फुडल्या पीळगेच्या संरक्षण तंत्रज्ञानाचा सह-विकास करपाच्या क्षमतेरय चर्चा केली.

महेश **100**

फाल्स मालमत्ता ऑनलायन पोस्ट करून पर्यटकांक कोट्यांनी रुपयां खातीर फटोवपाच्या संदर्भात मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी गृहमंत्री अमित शाह हांका पत्र बरयले ताका जाप दितना हे संबंदान **CBI**चो अर्थिक गुन्यांव फांटो **(**ईओबी**),** मुंबयन **28** तारखेक हो खटलो नोंद केलां आनी सद्याक ह्या प्रकरणाचो खोलायेन तपास सुरू आसा अशी जाप कोकणीतलयान पत्रा वरवि शाह हानी दिल्या**.** आपणे दिल्या निवेदनाचेर बेगोबेग कारवाय करून मुंबयतल्या **EOB** मार्फत गुन्याव दाखल केल्याबद्दल तांका मना काळजासावन देव बरें करूं आणि म्हज्या पत्राची जाप कोकणी भाशेंत मेळप हो भोव खोशयेचो खीण**.** आमच्या कोंकणीची व्याप्ती वाढटा ही अभिमानची गजाल अशी भावना मुखेल्मंत्री प्रमोद सावंत हाणी गृह मंत्री अमित शाह हाणी पत्राक केल्या जापेवीशी उलयताना व्यक्त केल्यो **byte**

शहा 240

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी म्हणला की नरेंद्र मोदी सरकारच्या काळात जम्मू आणि काश्मीर दहशतवादापासून मुक्त जातले. पहलगामातल्या दहशतवादी हल्ल्याक प्रत्युत्तर दिवपाक भारताच्या मजबूत, यशस्वी आणि निर्णायक ऑपरेशन सिंदूरावेल्या राज्यसभेत जाल्या चर्चेक जाप दितना गृहमंत्र्यांनी सांगले की दहशतवाद्यांचेर कठोर कारवाय करतले आणि दहशतवादी मुळाव्यो सुविधा जमीनदोस्त करतले. शाह यांनी यशस्वी ऑपरेशन महादेवखातीर सशस्त्र दल आणि सुरक्षा संस्थांच्या भूमिकेचे कौतुक केले जातुन पहलगाम दहशतवादी हल्ल्यात सहभागी आशिल्या तीन दहशतवाद्याक निष्क्रिय केले. सरकारान दहशतवादी हल्ल्या उपरांत रोखडीच पाकिस्तानविरुद्ध कडक पावला उबारली, ज्यातुन सिंधू उदक कबलात आणि व्हिसा सुविधा निलंबित करप आसपावता. पाकव्याप्त काश्मीर आणि पाकिस्तानमधले दहशतवादी अड्डे नष्ट करपाक सशस्त्र दलांक पूर्ण ऑपरेशनल स्वातंत्र्य दिल्ले ऑपरेशन सिंदूरान शंभरापरस अधिक दहशतवाद्यांक मारून उड्यले आणि दहशतवादी संघटनांचे दहशतवादी तळ उद्ध्वस्त केले.

काँग्रेसीन मतपेढी आणि तुष्टीकरणाच्या राजकारणा खातीर दहशतवादाविरुद्ध सौम्य भूमिका घेतल्याचोआरोप त्यांनी केलो. आदले गृहमंत्री पी. चिदंबरम यांनी दहशतवादी पाकिस्तानचे आशिल्याचो पुरावो मागल्याबद्दल ताणी टीका केली. चिदंबरम यांचे

विधान दहशतवादी संघटनांना संरक्षण दिवपी काँग्रेस पक्षाच्या मानसिकतेचे प्रतिबिंब आसा असो आरोप त्यांनी केलो.

चर्चेत भाग घेताना, राज्यसभेतले सभागृह फुडारी जे.पी. नड्डा यांनी पहलगाम दहशतवादी हल्ल्याचो निषेध केलो. त्यांनी नदरेक हाडले की दहशतवादी हल्ल्याच्या दिसा गृहमंत्री अमित शहा श्रीनगरपावले आणि प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी आपलो सौदी अरेबियाचो दौरा सोपयलो.हाचे वेल्यान सरकार कितलो संवेदनशील आसा हे दिसून येता अशे म्हणुन नड्डा यांनी सशस्त्र दल आणि सुरक्षा संस्थांच्या भूमिकेचे कौतुक केले. त्यांनी राजकीय नेतृत्व अत्यंत महत्त्वाचे आसा हाचेर भर दिलो. त्यांनी आरोप केलो की यूपीएच्या काळात शेजारी देशा वांगडच्या व्यापारा वांगडा दहशतवादी घडणुको घडटाल्यो. एनडीए सरकार दहशतवादाआड कठोरपणान लढता हाचेर ताणी भर दिलो

Pm किसान 50

प्रधानमंत्री किसान सन्मान निधी (पीएम-किसान) योजनेचो २०वो हप्ता २ ऑगस्टक जाहीर जातलो. या संदर्भात, कृषी आणि शेतकरी कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान यांच्या अध्यक्षतेखाला नवी दिल्लीत एक उच्चस्तरीय बसका झाली. या बसकेत कार्यक्रमाच्या तयारीचो आणि चडान चड शेतकऱ्यां मेरेन लाभ पावपा खातीर नियाळ घेतलो. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांच्या फुडारपणाखाला ही कार्यवळ उत्तर प्रदेशात वाराणसीत जातली.

वैष्णव **30**

रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सांगले की, तीन वर्साच्या अल्पावधीतच सगळ्या राज्यांक वंदे भारत ट्रेन सेवेन व्यापला आज लोकसभेत एका प्रश्नाच्या जापेत वैष्णव हाणी माहिती दिली की सध्या देशभरात १४४ वंदे भारत ट्रेन कार्यरत आसात byte

मुर्मू 110

पश्चिम बंगालातल्या नादिया जिल्ह्यात जाल्या अखिल भारतीय आयुर्विज्ञान संस्थ कल्याणीच्या उक्तावण दीक्षांत समारंभात राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू उपस्थित आशिल्ली राष्ट्रपतींनी ४८ एमबीबीएस पदवीधर आणि ९ पोस्ट-डॉक्टरल सर्टिफिकेट कोर्स

(पीडीसीसी) विद्वानांक पदवी प्रदान केली. २०१९ त सुरू जाल्या एम्स कल्याणी खातीर हो एक महत्त्वाचो पावंडो. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हानी म्हणले की, या संस्थेतल्यान पदवीधर जाल्या विद्यार्थ्यांनी गरीब आणि दलितांच्या भलायकी सेवेची जतनाय घेवंक जाय आणि एम्स कल्याणीक राष्ट्रीय अभिमानाचे करूंक जाय. चैतन्य महाप्रभू, 'नील दर्पण'चे लेखक दीनबंधू मित्र, प्रख्यात स्वातंत्र्यसैनिक बाघा जतिन, कल्याणीचे नियोजक आणि संस्थापक आणि माजी मुख्यमंत्री डॉ. बिधानचंद्र रॉय हांचो उल्लेख करत राष्ट्रपती नी म्हणले की, कल्याणीन खूपशा  महान व्यक्तिमत्त्वांक जन्म दिला आणि एम्सन ते दायज मुरवार व्हरूंक जाय.

Air 50

सध्या देशांत 585 ऑल इंडिया रेडिओ (एआयआर) एफएम केंद्रां आनी 388 खाजगी एफएम रेडिओ केंद्रां चलतात अशें सरकारान सांगलां. ही म्हायती म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री डॉ. एल. मुरुगन यांनी लोकसभेत एका प्रश्नाच्या लेखी उत्तरात ही माहिती दिली. फाटल्या वर्सा ऑगस्टांत जम्मू-काश्मीरांतल्या तीन चॅनल सयत नव्या 234 शारांनी 730 खाजगी एफएम चॅनलांचे ई-लिलाव करपाक सरकारान मान्यताय दिली.

चौहान 120

केंद्रीय ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी दीनदयाल अंत्योदय येवजण-राष्ट्रीय ग्रामीण उदरनिर्वाह अभियान DAY-NRLM खाला औपचारीक अर्थीक संस्थां वरवीं बायलां स्वयं-सहाय्यता गट  SHG क 11 लाख कोटी रुपयां वयर रीण दिल्ल्याचेर भर दिलो. ग्रामीण उदरगत मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां की चौहान यांनी हो पावडो समावेशी ग्रामीण उदरगत, बायलांचें अर्थीक सशक्तीकरण आनी गांव पांवड्यार आत्मनिर्भरताय वाडोवपा खातीर सरकारच्या दृढ वचनबद्धतेचे प्रतिबिंब

म्हणून दर्शयला. बँकींग समुदायाच्या भुमिकेची तोखणाय करतना तांणी नदरेक हाडली की लाखांनी गांवगिऱ्या बायलांचीं सपनां साकार करपाक बँको आनी बँक सखी म्हत्वाची भूमिका निभायतात.DAY-NRLM आनी Lakhpati Didi ह्या सारक्या केंद्र सरकाराच्या उपक्रमांक लागून भारताच्या गांवगिऱ्या वाठारांतल्या लाखांनी बायलांचे अर्थीक स्थितींत बदल घडटात अशें मन्त्र्यान  सांगलें.

निमिशा 100

निमिशा प्रियाची मरणाची ख्यास्त रद्द  जाता असो दावो चुकीचो आसा अशें परराश्ट्र मंत्रालयाच्या सुत्रांनी सांगलां. ह्या संवेदनशील प्रकरणाचेर चुकीची म्हायती आनी अदमास टाळचें अशें तांणी लोकांक आवाहन केलां.केरळांतली 41 वर्सां पिरायेची नर्स निमिशा प्रिया हिका जून 2018 वर्सा आपलो वेवसायीक सहकारी येमेनी नागरिक तलाल अब्दो महदी यांची हत्या केल्याबद्दल दोशी थारल्या उपरांत 16 जुलयाक फांशी दिवपाची आशिल्ली. येमेनच्या सर्वोच्च न्यायिक परिषदेन नोव्हेंबर २०२३ त तिची फाशी कायम दवरली.पूण निमिशा प्रियाच्या कुटुंबाक दुसऱ्या पक्षा कडेन परस्पर सहमतीन उपाय  काढपाक  चड वेळ दिवपाक  हालींच सरकारान केल्ल्या यत्नांक लागून ही फांशी फुडें धुकलली. खटलो सुरू जाले सावन सरकारान ह्या प्रकरणांत शक्य तितली मजत केल्या .

मानिपूर 50

लोकसभेन मणिपूरांत राष्ट्रपती राजवटीचो काळ 13 ऑगस्ट 2025 सावन आनीक स म्हयने वाडोवपाच्या वद्यानीक थारावाक मान्यताय दिल्या.गृह राज्यमंत्री नित्यानंद राय हांणी 13 फेब्रुवारी 2025 दिसा मणिपूरांत लागू केल्या राष्ट्रपती राजवटीचो काळ वाडोवपा खातीर सभाघराची मान्यताय मागपी थाराव मांडलो थाराव मांड्लो.

टेबल टेनिस 100

टेबल टेनिसांत भारताचे मुखेल खेळगडे आयज सुरू जावपी आनी 3 ऑगस्ट मेरेन चलपी फोज दो ￼गुआचु हांगाच्या राफेन कन्व्हेंशन सेंटरांत चलपी डब्ल्यूटीटी स्टार कंटेंडर ब्राझील 2025 सर्तींत वांटो घेतले. दादल्यांच्या एकोडी सर्तींत मानव ठक्कर,

हरमीत देसाय, मनुष शाह, स्नेहित सुरवज्जुला, पायस ज[illegible] आनी अंकुर भट्टाचार्य आस्तले

बायलांच्या एकोडी सर्तींत अहिका मुखर्जी, दिया चितळे, यशस्विनी घोरपडे आनी स्वस्तिका घोष हांचे वांगडा मणिका बत्रा पंगडाचें फुडारपण करतली.

Imd 40

भारतीय हवामान विभागान हिमाचल प्रदेशात आणि फाल्या पूर्व राजस्थानात खूप घोघ्याच्या पावसाचो अंदाज दीला . आज बिहार, छत्तीसगड, हिमाचल प्रदेश, जम्मू आणि काश्मीर, लडाख, ओडिशा, उत्तराखंड, पश्चिम बंगाल, सिक्कीम आणि ईशान्येकडच्या काय राज्यांनी काय सुवातिनी घोघ्याणी ते अति घोघ्याणी पाऊस पडण्याची शक्यता IMD न दिल्या .